# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>

ता. 4 सप्टेंबर 2018

13 भाद्रपद 1940

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी गोंय राज्यातल्या शिक्षकांक 57 व्या शिक्षक दिसाची परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, 5 सप्टेंबर म्हळयार शिक्षक दीस हो देशाचे आदले राष्ट्रपती सर्गेस्त डॉ.एस.राधाकृष्णन हांचो जल्मदीस, जे एक म्हान शिक्षक, शिक्षणतज्ञ आनी तत्वज्ञानी आशिल्ले. शिक्षक दीस मनयताना आमी तांका आदरांजली ओपूया आनी राष्ट्रबांदणीखातीर शिक्षकांनी केल्ल्या योगदानाचो उगडास करूया.

शिक्षक वर्ग युवा पिळगेची जडणघडण करून तांका ज्ञानाचो उजवाड दितात. हया दिसा आमच्या सगळयां शिक्षकांनी आपले विद्यार्थी आनी समाजाच्या उत्कर्षाखातीर प्रयत्न करपाक कटीबध्द जावचे.

गोंयच्या शिक्षक वर्गान डॉ. एस. राधाकृष्णन हांच्या कार्यातल्यान प्रेरणा घेवन समर्पित आनी कटिबध्दतेच्या नव्या भावनेन आपले कर्तव्य निभावचे. हांव गोंय राज्यातल्या सगळया शिक्षकांक परबीं भेटोवन तांका सुयश व्यक्त करता अशे मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1500